**Panaji national news 22.06.2025 6.30pm**

**प्रधानमंत्री**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज इराणाचो अध्यक्ष मसूद पेजेशकियन हांचे कडेन उलयतना इराण आनी इझ्राएल हांचे मदीं चालू आशिल्ल्या संघर्शांत हालींच्या काळांत वाड जाल्ल्यान खोलायेन हुस्को उक्तायलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सध्याचे परिस्थिती विशीं सविस्तर चर्चा केल्ल्याचेर भर दिला. बेगोबेग डी-एस्केलेशन, संवाद आनी मुत्सद्देगिरी हो मुखार वचपाचो मार्ग म्हणून आनी प्रादेशिक शांतताय, सुरक्षा आनी स्थिरताय बेगीन परतून हाडपाचो उलो प्रधानमंत्री मोदीन परतून सांगलें.

**गृहमंत्री**

सुसंस्कृत समाजांत हिंसाचार आनी तांबड्या आतंकवादाक सुवात ना अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां. सरकारान नक्सलवाद मुळासकट काडून उडोवपाचो संकल्प केला आनी तें बेगीन पुराय करतले अशें तांणी सांगलें. नवा रायपूरच्या गांव बंजरी हांगा राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ आनी केंद्रीय न्यायालयीन विज्ञान प्रयोगशाळेच्यो इमारती बांदपा खातीर बुन्याद घाल्या उपरांत एका कार्यावळींत ते उलयताले. सुमार 40 एकर वाठारांत ह्यो दोनूय राष्ट्रीय संस्था बांदतले.

श्री शाह आयज छत्तीसगढ आनी शेजारच्या राज्यांच्या पुलीस महासंचालक आनी अतिरिक्त पुलीस महासंचालक हांचे कडेन नया रायपूरांत सुरक्षा संबंदीत प्रस्नांचेर बसका घेतले. दुसरे बसकेंत केंद्रीय गृहमंत्री डावपेचवादी अतिरेकी विशीं सुरक्षेचोय नियाळ घेतले. फाल्यां केंद्रीय गृहमंत्री बस्तार विभागांतल्या नारायणपूर

जिल्ह्यांतल्या अबूझमाद वाठाराक भेट दितले आनी थंयच्या गांवकारां कडेन संवाद सादतले. हाचे भायर केंद्रीय गृहमंत्री नारायणपूर जिल्ह्यांतल्या इर्कभट्टी वाठारांत आशिल्ल्या शिमेचेर सुरक्षा दळाच्या शिबिराकय भेट दितले आनी जवानां कडेन संवाद सादतले.

## नीलगिरी

थळाव्यान बांदिल्ल्या प्रकल्प 17ए चोरी फ्रीगेटांतली पयली आयएनएस नीलगिरी आयतारा विशाखापत्तनम पावली. मुंबयंत बांदिल्लें आयएनएस नीलगिरीस आतां विशाखापत्तनमाचें मूळ बंदर करता आनी उदेंत तलवार- सूर्योदय बेडाचो एक अभिन्न भाग आसतलो. हें अत्याधुनीक झुजारी जहाज ताच्या बोधवाक्यान चलता – "अदरीश यबलम, अजय शौर्यम्". उदेंत नौदल कमांडाची क्षमता घटमूट करपा खातीर फुडल्या काळांत आयएनएस नीलगिरी आनी ताच्या वर्गांतलीं हेर तारवां हाडपाची अपेक्षा आसा.

## राष्ट्रीय तपास एजन्सी

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या प्रकरणांत एक सुदारणा करून राष्ट्रीय तपास एजन्सी (एनआयए) हांणी हल्लो करपी आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिल्ल्याचो आरोप करून दोन जाणांक अटक केल्या. बटकोटेचो परवैज अहमद जोथार आनी पहलगामच्या हिल पार्कांतलो बशीर अहमद जोथार ह्या दोगांयनी हल्ल्यांत वांटो घेवपी तीन सशस्त्र आतंकवाद्यांची वळख उक्तायल्या अशें एनआयएन निवेदनांत म्हणलां. आरोपींनी आपूण बंदी घाल्ल्या आतंकवादी संघटने लश्कर-ए-तैबा कडेन संबंदीत आशिल्ले पाकिस्तानी नागरिक आशिल्ल्याचीय पुष्टी केल्या अशें एजन्सींतल्यान सांगलां. एनआयएच्या म्हणण्या प्रमाण परवाज आनी बशीर हांणी हल्ल्या पयलीं हिल पार्कांतल्या हंगामी झोपडपट्टींत जाणूनबुजून ह्या तिगांय सशस्त्र आतंकवाद्यांक आलाशिरो दिल्लो. अटक केल्ल्या मनशांनी

आतंकवाद्यांक जेवण, आलाशिरो आनी रसद आदार दिल्ल्याचें सांगलां. एनआयएन बेकायदेशीर कार्यावळी (आडाव) कायद्या खाला ह्या जोडयेक अटक केल्या.

100 **शौर्यथॉन २०२५**

लद्दाखांत आयज द्रासांतल्या इतिहासीक कारगिल झुजाच्या स्मारकांत सरहद शौर्यथॉन २०२५ जालें, तातूंत देशभरांतल्या दोन हजारां वयर पांचशें वयर खेळगड्यांची उमेदीन वांटो घेतलो. भारतीय सैन्यान, पुणेच्या सरहद फावंडेशन आनी कारगिलच्या थळाव्या नागरी प्रशासनाच्या सहकार्यान ही कार्यावळ घडोवन हाडली.

ह्या मॅरेथॉन सर्तीचो ध्वज महाराष्ट्राचे मानादीक उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी एलएएचडीसीचे मुखेल कार्यकारी काउन्सिलर कारगिल डॉ.

उंचायेचेर जाल्ल्या ह्या सर्तींत चार सर्ती विभाग आशिल्ले - एकवीस किलोमीटर, धा किलोमीटर, पांच किलोमीटर आनी तीन किलोमीटर - द्रास देशभक्ती, एकचार आनी शारिरीक सहनशक्तीचें एक जिवंत केंद्र जालें.

**ईपीएफओ)**

कर्मचारी प्रॉव्हिडंट फंड ऑर्गनायझेशनान (ईपीएफओ) अंदू एप्रीलांत 19 लाखां वयर वांगडी जोडल्यात. फाटल्या म्हयन्याच्या तुळेंत 31.31 टक्क्यांनी वाड जाल्या. कामगार आनी रोजगार मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण नव्या वांगड्यांत दोन लाखां परस चड बायल ग्राहकांचो आस्पाव आसा.